**प्रयोगसांज कार्यक्रमात शेनवारा " वारी " नाट्य सादरीकरण**

ता. 28 जानेवारी 2021

कला आनी संस्कृती संचालनालयान प्रयोगसांज कार्यक्रमात शेनवार ता. 30 जानेवारी 2021 दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर बहुउद्देशीय सभाघर, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा " **वारी** " ह्या नाट्य प्रयोगाचे आयोजन केला.

प्रसाद कळंगुटकर हांणी हे नाट्य बरयला आनी ह्या नाट्यात अश्वेक देसाय, प्रसाद कळंगुटकर आनी वेद आमोणकर ह्या तीन कलाकारांनी भुमिका सादर केल्या. ह्या नाटकाचे दिग्दर्शन माधुरी शेटकर हांणी केला. गौतम गावडे हांची उजवाडा येवजण जाल्यार रंगमाची मांडावळ मार्क फर्नांडिस हांची आसा.

सरकारान सांस्कृतिक कार्यावळीं आयोजीत करपा खातीर लागू केल्ल्या एसओपीक आनी मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवन हो प्रयोग आयोजीक करतले. ह्या प्रयोगाक पयली येवप्यांक पयली हे प्रमाण 60 ते 70 प्रेक्षकांक प्रवेश दिवपात येतलो आनी सामाजिक अंतर राखप, सॅनिटायजेशन, मास्क घालप अशां नेमांक पाळो दिवपात येतलो.

इत्सुक नाट्यसंस्था, दिग्दर्शक आनी कलाकारांनी आपलो नाट्य प्रयोग सादर करपाखातीर कला आनी संस्कृती संचालनालया कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/135

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity